## मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं नव्या गुन्यांवकारी कायद्यांवयल्या कार्यशाळेचें उक्तावण

ता. 29 ऑगस्ट 2024

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज एला फार्म पोरणे गोंय हांगा गोंय लोकप्रशासन आनी ग्रामीण विकास संस्थेन अखिल भारत सेवा अधिकाऱ्यांखातीर भारतीय नागरीक सुरक्षा संहिता, भारतीय न्याय संहिता आनी भारतीय शिक्षा अधिनियम विशयाचेर आयोजीत कार्यशाळेचें उक्तावण केलें.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्र्यान समकालीन सामाजिक गरजां प्रमाण भारतीय गुन्यांवकारी न्याय वेवस्थेत सुदारणा करपा खातीर नवीन गुन्यांवकारी कायद्यांची भुमिका म्हत्वाची आशिल्ल्याचे सांगलें. ह्या नवीन कायद्यांविशीं परिचीत जावपाक ही कार्यशाळा अधिकाऱ्यांखातीर एक बरी संद आसा. अधिकाऱ्यांनी अदीक म्हायती मेळोवपा खातीर Igot कर्मयोगी प्लॅटफॉर्माचो उपेग करचो, अशें तांणी सांगलें. केंद्र सरकारान सुरू केल्ल्या नाविन्यपुर्ण येवजणो आनी उपक्रमांची तोखणाय करून मुख्यमंत्र्यान विकसीत भारत, विकसीत गोंय 2047 चे उद्दीश्ट साध्य करपा खातीर गोंय राज्य लोककल्याणकारी विकासाच्या दिकेन नेटान पावलां मारता, अशें सांगलें.

मुख्य सचीव श्री. पुनीत कुमार गोयल हांणी अधिकाऱ्यांखातीर नवीन गुन्यांवकारी कायद्यांचेर कार्यशाळा आयोजीत केल्ले खातीर समाधान व्यक्त केल.

सीबीआय चे आदले विशेश संचालक श्री. धरमचंद जैन हांणी नवीन गुन्यांवकारी कायद्यांचेर अधिकाऱ्यांक मार्गदर्शन केले.

पुलीस म्हासंचालक श्री. आलोक कुमार आनी अखिल भारत सेवा अधिकांरी कार्यशाळेच्या उक्तावण कार्यक्रमाक हजर आशिल्लें.

श्रीमती समृध्दी गणपूले हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी वासुदेव शेट्ये हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/456

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.